Akashvani Panaji
National news 6.1.25
at 6.30pm

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी आयज व्हिडियो कॉन्फरन्सिंगांवरवीं वेगवेगळ्या रेल्वे प्रकल्पांचें उक्तावण केले आनी बुन्याद घाली. ह्या वाठारांत जोडणी आनीक वाडोवपा खातीर प्रधानमंत्र्यानी नव्या जम्मू रेल्वे विभागाचें उक्तावण केलें. जम्मू रेल्वे विभाग तयार केल्यान जम्मू-काश्मीर आनी भोंवतणच्या वाठारांक व्हड फायदो जातलो आनी लोकांची बऱ्याच काळासावन प्रलंबीत आशिल्ली आकांक्षा पुराय जातली.. हाका लागून रोजगाराची संद निर्माण जातली आनी मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास जातलो, पर्यटन कचालना मेळतली आनी वाठाराची सर्वांगीण समाजीक आर्थीक उदरगत जातली. चारला पल्ली प्रधानमंत्री मोदी हांणी तेलंगणांतल्या चार्लापल्ली नव्या टर्मिनल स्टेशनाचें उक्तावण केलें आनी ईस्ट कोस्ट रेल्वेच्या रायगडा रेल्वे विभाग इमारतीची बुन्याद घाली.

विकसीत भारताची मोख पुराय करपाक देश वावूरता आनी हे खातीर भारतीय रेल्वेची उदरगत खूब म्हत्वाची आसा अशें तांणी मुखार सांगलें. फाटल्या 10 वरसांत भारतीय रेल्वेची खुब उदरगत जाल्या आनी ताका लागून देश विकासाच्या नंदरेतल्यान बदलला अशे ताणी म्हळे. मुळाव्या साधनसुविधांचो विकास, रेल्वे प्रवाशांक आरवीललयो सुविधा, देशाच्या दरेका कोनशांत रेल्वे जोडणी आनी रोजगार निर्मिती आनी आदार दिवपी उद्वेग ह्या चार विचारांचेर सरकार रेल्वेची उदरगत मुखार व्हरता अशें तांणी स्पश्ट केल

------------

लोकसभा अध्यक्ष ओम बिर्ला हाणी आयज नवी दिल्लीच्या संविधान सदनच्या सेंट्रल हॉलांत पंचायत से संसद 2.0 कार्यावळीचें उक्तावण केलें. 20 राज्यां आनी केंद्रशासित प्रदेशांच्या पंचायती राज संस्थांमधल्यान वेंचून आयिल्लीं सुमार पांचशें बायलां प्रतिनिधी ह्या कार्यावळींत वांटो घेतात. पंचायती राज संस्थांनी अनुसुचीत जमातींतल्यान वेंचून आयिल्ल्या बायलां प्रतिनिधींक सक्षम करप आनी प्रभावी फुडारपण वाडोवपा खातीर घटनात्मक तरतुदी, संसदीय कार्यपद्दती आनी शासन हांचे विशीं तांचें गिन्यान वाडोवप हो ताचो हेत आसा.

पंचायती राज संस्था गांवांच्या उदरगती खातीर आनी आत्मनिर्भर भारताचें सपन साकार करपा खातीर वावुरतात अशे ह्या वेळार उलयतना ओम बिर्ला हांणी म्हणलें. देशाच्या दायज आनी संस्कृतायेत बायलांचें खूब योगदान आसा अशें तांणी सांगलें. बायलांक समाजीक आनी अर्थीक नदरेन सशक्त आनी आत्मनिर्भर करपाक पंचायतींचो म्हत्वाचो वांटो आसा अशें बिर्ला हांणी सांगलें. बायलां आनी भुरगीं उदरगत अन्नपूर्णा देवी हांणी ह्या उपक्रमाची तोखणाय करून बायलांक सशक्त करपाक मजत जातली अशें सांगलें. केंद्र सरकाराच्या येवजण्यो आनी कार्यावळींचो फायदो निमण्या पातळीचेर पावोवपाक पंचायतीं कडेन संबंदीत बायलांचो म्हत्वाचो वांटो आसतलो अशें तिणें सांगलें.

---------------------------------

गिरायक वेव्हार मंत्री प्रहलाद जोशी हांणी आयज भारतीय मानक ब्युरोक (बीआयएस) क गिरायकांच्या मागणी प्रमाण रुपे आनी

रुप्याच्या वस्तूंचेर अनिवार्य हॉलमार्किंग सुरू करपाचो विचार करपाची सूचना केली.

नवी दिल्लींत ब्युरो ऑफ इंडियन स्टँडर्ड्साच्या 78व्या स्थापना दिसाच्या कार्यावळींत उपस्थितांक संबोधीत करतना मंत्री जोशी हांणी सांगलें की, देशाची प्रगती फकत ताच्या स्वत:च्या मानकां प्रमाण थारतली. १९४७ वर्सा सुरू जाल्ल्या पासून, बीआयएस वेगवेगळ्या क्षेत्रांनी मानक तयार करपाक, चालीक लावपाक आनी चालना दिवपाक म्हत्वाचो वावर करता अशें तांणी सांगलें.

गुणवत्ता नियंत्रण आदेश (क्यूसीओ) चालीक लावप हो गुणवत्ता पर्यावरण यंत्रणेची आधारशिला अशें मंत्री जोशी हांणी स्पश्ट केलें. क्यूसीओ फकत गिरायकांची राखण करिनात तर भारतीय उद्देगांची संवसारीक विस्वास वाडयता अशें तांणी सांगलें. बीआयएसन आयज मेरेन 750 वयर उत्पादनांचेर परिणाम करपी सुमार दोनशें क्यूसीओ जारी केल्यात अशें तांणी नदरेक हाडलें.

---------------

विद्यार्थ्यांनी येरादारी नेम पाळून रस्ते फकत स्वता खातीर न्हय तर हेरां खातीर सुरक्षीत करपा खातीर केंद्रीय रस्तो येरादारी आनी म्हामार्ग मंत्री नितीन गडकरी हांणी आवाहन केलां. मुंबयंत एनएचएआय वरवी र सडक सुरक्षा अभियान 2025 च्या ‘सुरक्षा रीलोडेड’ कार्यावळीत उलयताना फाटल्या एका वर्सभरात रस्त्यार जावपी अपघातांचो आंकडो वाडला अशें गडकरी हांणी सांगलें आनी रस्त्यार जावपी अपघात आनी तांच्या बळीं कडेन संबंदीत वेगवेगळी आंकडेवारी सांगली. भुरग्यांक

आपल्या पालकांचेर आनी भोंवतणच्या लोकांचेर प्रभाव घालपाची तांक आसता हाचेर तांणी भर दिलो. जर भुरग्यानी नियमांचे पालन करपाचें उतर दिल्यार तीं फकत स्वत:कच सुरक्षीत न्हय तर दुसऱ्यांची राखण करपाकय मजत करतले अशें गडकरी हांणी पुनरुच्चार केला

--------